**NATIONAL NEWS ON 4th feb 2026 6.30 PM**

**नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरविभागा वरवी सविता बर्वे तुमका राष्ट्रीय खब्रो दिता**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू स दिसांच्या ओडिशाक भोंवडेर आसात. ह्या भेटी वेळार ताणी आयज पुरीच्या श्री जगन्नाथ देवळांत प्रार्थना केली. प्रादेशिक उदरगत आनी थळाव्या दायजाची जतनाय घेवपाचें म्हत्वचेर

ताणी भर दिलो .राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयच्यान मणिपूरांतली राष्ट्रपती राजवट रद्द केला. फाटल्या वर्सा 13 फेब्रुवारीक मणिपूरांत राष्ट्रपती राजवट लागू केल्ली. हेविशी घर मंत्रालयान राजपत्रित अधिसुचोवणी जारी केल्या.

११५ भारत-अमेरिका वेपार कबलातीत सारो, शेती सारक्या संवेदनशील मळार सरकारान खासा लक्ष दिलां अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज स्पश्ट केलें. हि कबलात हें द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाचें आनी वर्स 2047 मेरेन विकसीत भारताचे ध्येय साद्य कर्पाखातीर म्हत्वाचें पावल आसा अशें ताणी म्हणला.

फेब्रुवारीक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी अमेरिकेचो अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जायत्या द्विपक्षीय आनी संवसारीक प्रस्नांचेर चर्चा केल्या उपरांत राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी अमेरिकेंतल्या भारतीय निर्यातीचेर शुल्क 18 टक्क्यांनी उणें करपाची घोशणा केल्या अशें ताणी सांगलें. मजगती भारत-अमेरिका कबलातीक लागून देशाची जीडीपी वाडटलीच, पूण सामान्य मनशाची अर्थीक क्षमताय घटमूट जातली अशें समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री वीरेंद्र कुमार हांणी म्हला. हे कबलातीचे फुडाराक खूब फायदेशीर परिणाम जातले अशें तांणी मुखार म्हणला

ब्रिक्स देशांतल्या उत्पादन कंपनींक आनी सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देगांक एकत्रीत आदार सेवा दिवपा खातीर भारत ब्रिक्स उद्देगीक कार्यक्षमताय केंद्रांत (बीसीआयसी) सामील जाला. उद्देग आनी अंतर्गत वेपार प्रवर्धन खात्यान नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ही

घोशणा केल्या. तशेच राष्ट्रीय उत्पादकता परिषदेची ब्रिक्स उद्देगीक कार्यक्षमताय केंद्र म्हूण नेमणूक केल्या अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलां.

राष्ट्रीय वैजकी परिक्षा मंडळान नीट पीजी 2025-26 खातीर पात्रताय कट ऑफ परसेंटायल खूब उणो करपाच्या निर्णयाक आव्हान दिवपी याचिकेचेर सर्वोच्च न्यायालयान केंद्र सरकार आनी हेर अधिकाऱ्यां कडल्यान प्रतिसाद मागला. न्यायाधीश पी. नरसिंह आनी आलोक आराधे हांणी केंद्र सरकार, राष्ट्रीय वैजकी परिक्षा मंडळ, राष्ट्रीय वैजकी आयोग आनी हेर संबंदीत संस्थांक नोटीस जारी केल्यात.

राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणाचेर आभार प्रस्तावा विशीं लोकसभेन आयज चर्चा सुरू केली. तेन्ना तेलुगू देशम पक्षाच्या बालयोगी हांणी उपकार प्रस्तावाक तेंको दिलो आनी राष्ट्रपतीच्या संबोधनांत सुदारणा, समावेशकता आनी दीर्घकाळ स्पर्धात्मकताय हांचेर आदारिल्लो आत्मविस्वास आशिल्लो राष्ट्रीय आराखडो आसा अशें सांगलें.

मजगती राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणाचेर आभार प्रस्तावा विशीं आयज राज्यसभेंत परतून चर्चा सुरू जाली. केंद्रीय मंत्री आनी सभाघराचे फुडारी जे.पी. नड्डा हाणी ताच्या भाशणांत अमृतकलाची भावना दिसून येता आनी मोदी सरकाराच्या कामगिरीचेरूय भर दिला अशें सांगलें. भारत आयज संवसारांतली सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था सुदारणा, कामगिरी आनी परिवर्तन हांची नदर दवरून सरकार वावुरता अशें तांणी मुखार सांगलें. इतले मजगती मोदी सरकाराच्या काळांत समाजीक न्याय आनी समरसताय इबाडल्या असो आरोप राज्यसभेंतलो विरोधी फुडारी मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी केंला

फाटल्या पांच वर्सांत 1 लाख कोटी रुपयां परस चड मोलाचीं घुवले वखदां जप्त केल्यांत अशें घरराज्यमंत्री नित्यानंद राय हांणी सांगलें. आयज राज्यसभेंतल्या एका प्रस्नाक जाप दितना

तांणी ही म्हायती दिली. 2029 मेरेन भारत ड्रग्स मुक्त करपा खातीर तीन वर्सांचो आरकःडो तयार करपाची विनंती सगल्या संबंदीत भागधारकांक सरकारान केल्या अशें ताणी सांगलें.

भारताच्या विकसीत भारत ध्येयांत समाजीक न्याय हो केंद्रस्थानी आसा अशें न्यूयॉर्कांत जाल्ल्या संयुक्त राष्ट्रांच्या समाजीक उदरगत आयोगाच्या 64व्या अधिवेशनांत बायलां आनी भुरगी विकास राज्यमंत्री सावित्री ठाकुर हांणी सांगलें.

हवामान

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, उत्तराखंड आनी बिहारांत दाट धुकें पातळपाचो अदमास उक्तायला.

दिल्लीत जाल्या आशियाई रायफल आणि पिस्तूल वस्तादपण सर्तीत ईशा सिंग हिने बायलांच्या वैयक्तिक १० मीटर एअर पिस्तूल गटात  भांगरा पदक जिखलें.

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्योआमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकोक मेळटले फाल्या सकाळी 8 जावन 40